पणजी म्हापालीचेन 2025-26 अर्थिक वर्साखातीरचो अर्थसंकल्प आयज सादर केलो.2025-26 वर्सात म्हापालीकेक 120 कोटी रूपया महसुल मेळटलो जाल्यार 118 कोटी रूपया खर्च जातलो,जाल्यार उदरगतीच्या कामांखातीर 20 कोटी रूपया खर्च करतले अशी म्हायती महापौर रोहीत मोन्सेरात हांणी दील्या.म्हापालीकेची अर्थिक स्थीती घटमुट आसा अशे मोन्सेरात हांणी सांगला.म्हापालीकेन बऱ्यापैकी येणे वसुल केला अशीय म्हायती तांणी दील्या.

इतले मजगती आदलो महापौर सुरेंद्र फुर्तादो हांणी म्हापालीकेन दील्लो हीशोब चुकीचो आसा असो आरोप केला. CCP चो फुल फोर्म म्हणल्यार copy cut paste असो थोमणोय तांणी मारला.म्हापालीके घरपटीच्या रूपान मेळपी सुमार 80 कोटी येणे वसुल कूल्लो ना अशे फुर्तादो हांणी म्हळा.

कोणुय जेन्ना वास्को शारांत भितर सरता तेन्ना ताच्या तोंडार खोस दिसपाक जाय ह्या नदरेतल्यान सध्या वास्कोतली उदरगतीची कामां सुरू आसा म्हणपाची म्हायती वास्कोचो आमदार दाजी साळकार हाणें दिल्या.

वास्को शारांत भितर सरताना येरादारीक येवयी आडमेळे पयस करपाखातीर सुमार ४ कोटी रुपया खर्च करून पुराय वाठाराचें विस्तारी करणाचे काम हातान घेतला, ताची सुरवात केल्या उपरान्त उलयताना आमदार साळकार हाणें म्हळा, की फाटली ३० वर्सा जाली येरादारीक शारां भितर सरताना त्रास जाताले. पुण जमिन धनयांनी हो प्रश्न सुटावो करपाक तेको दिल्ल्यान ह्या प्रश्नाचो सुटावो जाल्लो आसा. केंद्र सरकार आनी राज्य सरकारान वेगवेगळे प्रकल्प सुरु करपाक आदार दिल्ल्यान आनीक फुडल्या कांय दिसांनी सबंद वास्को शांर एका नव्या रूपान सगळ्यांक पळोवपाक मेळटलें म्हणपाची म्हायती वास्कोचो आमदार दाजी साळकार हाणें दिली. ह्यावेळार नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार, पालिका वांगडी शमी साळकार आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

गाेंयांतल्या फामाद उत्सवापैकी एक आशिल्ल्या श्रीस्थळ-काणकोण हांगाच्या मल्लिकार्जुन देवस्थानात आज शिर्शारान्नी उत्सव मोट्या भक्तीभावान आनी दबाज्यान मनयलो. या उत्सवाक हजाराेंनी भाविक हाजीर आशिल्ले.

शिर्शारान्नी म्हणजे, मनशांच्या तकल्यांचेर आदन दवरून शीत शिजाेवपाची एक विधी. हाे विधी मल्लिकार्जुन देवळात जाता. ह्या उत्सवात तीन अवतार पुरुशांचेर अवसर येता आनी ह्या अवतार पुरुषांच्या तकलेर आदन दवरुन सकल उजो पेटोवन शीत रांदतात आनी उपरांत एका भक्ताच्या तकलेक तलवारीन घाय करुन तांतल्यान येवपी रगत ह्या शीतात भरसून ते शीत सगल्यांक फांफुडतात. हो असो अनोखो विधी पळाेवपाक हजारांनी भावीक श्रीस्थळ-काणकोण हांगा जमा जातात.

इतले मजगती, आयज सांजवेळा जांबावलेच्या शिगम्याचाे नाल्ल जांबावले व्हरपाखातीर मडगावात मिरवणूक सुरु जाल्ली. सध्या हाे नाल्ल मिरवणुकेन जांबावली वचपाक भायर सरला. काल राती काेंब-मडगाव हांगा केणी हांच्या घरात मोहित केणी हांणी ह्या नाल्लाची विधीवत पूजा केल्ली. आयज हो नाल्ल जांबावले व्हरतले आनी त्या उपरांत जांबावलेच्या शिगम्याक सुरुवात जातली. जांबावलेचो प्रसिद्ध असो गुलालोत्सव मंगळारा २५ मार्चाक जातलो.

गोंयचे राजभाशेंत म्हणल्यार कोंकणींतल्यान राज्य माहिती आयोगान न्याय-निवाडो दिवपाच्या म्हत्वाच्या निर्णयाचें अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन स्वागत केलां. आनी राज्य माहिती आयुक्त आत्माराम बर्वे हांकां परबीं भेटयल्यांत. हो निर्णय राजभाशेचो प्रसार आनी प्रचार करूंक म्हत्वाचो थारतलो अशें परिशदेचे कार्याध्यक्ष चेतन आचार्य हांणी म्हणलां. काल राज्य म्हायती आयुक्त आत्माराम बर्वे हांणी आपलो निवाडो कोंकणीतल्यान दिल्लो. आयोगाकडल्यान काेंकणीतल्यान निवाडो दिवपाची ही पयलीच खेप आसली.

गोंय विधानसभा कोंकणींतल्यान चलता. सरकारी कामकाजांत ल्हव ल्हव कोंकणीचो वापर जावंक लागला. आतां राज्य माहिती आयुक्तान न्याय-निवाडो कोंकणींत दिल्ल्यान न्यायालयीन कामकाजांत कोंकणीचो वापर जावपाक सुरवात जाल्या ही खूब बरी गजाल अशें चेतन आचार्य हांणी मुखार सांगलें.

गोंयच्या लोकांचे भाशेंतल्यान आनी तांकां बरे तरेन समजता ते भाशेंतल्यान न्याय-निवाडो दिल्ल्यान माहिती आयुक्त आत्माराम बर्वे आनी राज्य माहिती आयोगाची तोखणाय करता तितली थोडी. आयोगान हो वावर चालू दवरचो अशी विनवणी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन केल्या. सरकारी कामकाज कोंकणींतल्यान चलचें खातीर परिशदेचो सरकाराक सदांच तेंको आसतलो अशें तांणी मुखार सांगलें.

गोंयचे मानादीक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत तशेंच माहिती आयुक्त आत्माराम बर्वे हांच्या पावलांचेर चलून सगळ्या सरकारी खात्यांच्या मुखेल्यांनी राजभाशा अधिनेम प्रभावीपणान चालीक लावचो अशें आवाहन परिशदेन केलां.

अखिल गोंय रसायनशास्त्र शिक्षक संघटणेन एससीईआरटी आनी पारुल विद्यापीठ, गुजरात हांच्या सहकार्यान गोंयांतल्या उच्च माध्यमीक शाळांनी रसायनशास्त्र शिकोवपी शिक्षकां खातीर एक प्रशिक्षण कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. विद्यार्थ्यांक रसायनशास्त्र शिकप सोंपें आनी आनंददायी करपा खातीर शिक्षकांक प्रशिक्षण दिवप हो हे कार्यशाळेचो हेत आसा.

ह्या कार्यशाळेत पाठांतरांक वाव ना अशे प्रस्न विचारून विद्यार्थ्यांची तांक तपासपी प्रस्नपत्रिका तयार करप, रसायनशास्त्र विषय शिकयताना, शिकप सोंपें करपाक वेगवेगळे उपाय आपणावप,

रसायनशास्त्रांत विषयात जाल्ले नवे संशोधन आनी ताचो अभ्यासक्रमातलो आसपाव अशा वेगवेगळ्या विषयांचेर सत्रा जातली. २७ मार्च दिसा जावपी पोन्ने गोयां जावपी ह्या एका दिसाच्या कार्यशाळेत राज्यातल्या सरकारी आनी अनुदानित शाळांनी रसायन शास्त्र शिकोवपी शिक्षकांनी वांटेकार जांवचे अशे आवाहन परवरेच्या राज्य शिक्षक प्रशिक्षण संस्थेन केला.

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी म्हायती तंत्रज्ञान, इलेक्ट्रॉनिक्स आनी संचारण खात्याची बसका घेवन ह्या खात्याच्या कामाचो नियाळ घेतलो.

वेळार उद्देग आनी येरादारी मंत्री मावीन गुदीन्हो, पर्यटन आनी आयटी मंत्री श्री रोहन खंवटे,IT म्हामंडळाचे अध्यक्ष आमदार डॉ.चंद्रकांत शेट्ये,मुखेल सचीव वी .केन्डावेलु, तशेंच IT समीतीचे वांगडी हाजीर आशील्ले. ह्या समितीन गोंयची स्टार्टअप इकोसिस्टम, वेगवेगळ्या क्षेत्रा प्रमाण स्टार्टअप, आनी 2025-26 वर्सा खातीर म्हायती आनी तंत्रगिन्यिनावीशी प्रस्तावीत विशयाचेर चर्चा जाली.

ह्या बसकेत Start start up खातीर सरकारी येवजणेतल्यान मजत करपाक येवजणे खातीर अर्ज तशेंच ह्या क्षेत्रितल्या कामगारांक पगार & जमीन परतफेड येवजण्यांवीशी चर्चा जाली.

वीज खात्यावरवी smart pre paid meter बसोवपाखातीर digi smart network pvt.ltd ह्या कंपनीक सरचारान कंत्राट दीला.सुरवेक वेवसायीक आनी 3 phase वीज गीऱ्हायकांक हेमीटर बसयतले.घरगुती वीज धारकांक वीजेचे हे स्मार्ट मीटर आता तरी बसोवचे ना अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगला.ते मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले.

ताळगांवचो श्यामा प्रसाद मुर्खजी स्टेडीयम भौशीक खाजगी भागीदारी तत्वाचेर 10 वर्साखातीर चलोवपाक दीवपाचो निर्णय आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला.dome entertainment private ltd. ह्या कंपनीक हे कंत्राट दीला.सरकारी कार्यावळीक हो स्टेडीयम सरकाराक विनाशुल्क मेळटलो,मात हेर दीसांनी ताचो उपेग जावन तितुल्यान सरकाराक महसुल मेळचो ह्या हेतान हो निर्णय घेतला.हातुल्यान सरकाराक म्हयन्याक 25 लाख 25 हजार महसुल मेळटलो अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दीला.

हे शिवाय पिवपाच्या उदकाच्या खात्याचे नेम, गोवा होमीयोपॅथी विधेयक,तशेंच गोय वैजकीय म्हाविद्यालयात कंत्राटी पद्धतीचेरopthomologist नेमपाचो निर्णय , आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला. विकसीत गोवा 2037 करपाच्या फांटभुयर सरकारानcorporate chanakya services pvt ltd कडे कबलात केला. वेगवगळ्या मळार सुधारणा करपाखातीर सुचोवण्यो, तशेंच रल्लो qr code वरवी ह्यानफुडे लोकांकह्या सेवेवर दीवपाक मेळटल्योअशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज e- मुद्रांक म्हणल्यारूच e -stamping सुविधा launch केली.हयावेळार महसुल खात्याचे मंत्री बाबुश मोन्सेरात तशेंच मुखूल सचीव वी केन्डावेलु हाजीर आशील्ले. हया सुविधेवरवी 10 हजार वा 10 हजारावयलेलो stamp duty वीशींचो वेव्हार e -stamping वरवी अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या. जाल्यार 1एप्रीलासांवन ही सेवा कार्यरत जातली .ही सुविधा चालीक लावपाक सरकारान stocking corporation of india कडे कबलात केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. हयावेळार आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणेखातीर गोंय महसुल खात्यान माझगांव डोक कडे e- stamping सुविधेवरवी कबलात केली. stamping चो वेव्हार पारदर्शक जावचो ,digital जावचो,तशंच stamping दरम्यान जावपी घोटाळ्यांक पुर्णविराम वावपाच्या हेतान ही सेवा उपलब्ध केला.

सांस्कृतिक दायज आनि हिंदू मुसलमान मदीं आशिल्लो धार्मिक एकवट दाखोवपी वैशिष्ट्यपूर्ण अशी घोडेमोडणी साखळी शहरात दबाजान जाली. साखळे हांगसर गावठणची घोडेमोडणी आनि पर्ये सत्तरीची घोडेमोडणी तशी खूप पारंपारिक आनि फामाद. गावठाणचे देवी सातेरी केळबाय देवीचे घोडे आनि पर्ये सत्तरीच्या श्री सप्तशती भूमिका देवीचे घोडेमोडणीं एकाच दिसा जातात .पर्याचें घोडे तुळशीमळा दत्तवाडी हांगा वचून साखळेच्या बाजारातल्या हनुमान मंदिरालागीं वता जाल्यार गावठणचे घोडे साखळी येवन चार-पाच सुवातांनी रिंगण घालतात आनि हनुमान fमंदिराकडे येता. पर्या आनि गावठण चे घोडे हनुमान मंदिराकडे आयले उप्रांत चकमक जाता आनि दोन्ही वाटेतले घोडे परततात. ते आदीं पर्येचे घोडे दत्तवाडी हांगसर आशीर्वाद घेवन मुस्लिम समाजाच्या बाबर पीर दर्गाक भेट दिवन धार्मिक एकचार दाखयता. अशी ही पर्ये आनि गावठणचीं वैशिष्ट्यपूर्ण घोडेमोडणीं.

गोंय पर्यटन खातें आनि दिवचल शिमगोत्सव समिती हांच्या जोडपालवान दिवचल शारांत आयज (20/3/25) मिरवणूक जातली. हे निमतान बोर्डे दिवचल हांगासर श्री वडेश्वर देवळा लागीं गाराणें घालून मिरवणूक सुरुवात जातली. हे वेळार चित्ररथ ,रोमटामेळ, लोकनाच, वेशभूषा सर्त जातली. वेशभूषा सर्त छत्रपती शिवाजी महाराज मैदानार जातली .शिमगोत्सव मिरवणुकी निमतान येरादारीत बदल केला. दिवचल बाजारात आणि त्या वाठारांत गाडी वरपाक मनाय आसतली. बायपास रस्त्यावयल्यान येरादारी वेवस्था केल्या .महोत्सवाक लोकांनी वडा संखेन येवन आनंद घेवचो अशे आवाहन दिवचल मतदार संघाचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हाणीं केला.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मुखेलमंत्री पदाची सुत्रा हातान घेतील्ल्याक बुधवरा 6 वर्सां पुराय जाल्यात. हे फांटभुयेर तांणी गोंयकारांनी तांचेर दाखयील्ल्या विस्वासाक, आदाराक, आनी मोगा खातीर गोंयकारांचे उपकार मानल्यात.गोंयकार म्हाका दर दिसा प्रेरणा दितात अशेय मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

ही संद मेळिल्ल्या खातीर हांव भारतीय जनता पक्षाचो ,प्रधानमंत्री श्री

नरेंद्र मोदी ,केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा,, राश्टीय भाजप प्रदेश अध्यक्ष जें.पी नड्डा हाचेय उपकार मानता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

गोंय विकसीत आनी स्वयंपूर्ण करपाक मार्गदर्शन केल्ल्या खातीर तशेच म्हज्या पुराय प्रवासांत दिल्ल्या अखंड आदार आनी प्रोत्साहा खातीर सगळ्या भाजपा कार्यकर्त्यांचो हांव मनाकाळजासांवन ऊपकारी अशे मुखेलमंत्री सावंत हांणी म्हळा.

गोंयच्या सर्वांगीण उदरगतीखातीर हाव असोच नेटान फुडारातुय वावुरतलो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.